# <u>आंब्यांचे उत्पादन घेवपी शेतकारांची संघटना स्थापन करपा खातीर नोंदणी</u>

ता. 28 जुलय 2021

राज्य सरकारान थळाव्या भात पिकांच्यो जाती, वेगळ्या वेगळ्या जातीचे आंबे, केळी, काजू, वायंगी, थळावे भेंडे, हेर भाज्यो, वेगळीं वेगळीं फुलां ह्या सारख्या शेती उत्पादनांक भुगोलीक कुरू मेळोवपाक अर्ज करपा खातीर राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळात पेटंट सुविधा केंद्र येवजण सुरू केल्या. मंडळान गोंयच्या मानकुराद आंब्याक भुगोलीक कुरू मेळोवपा खातीर अर्ज केला आनी मांगेलार आनी मुसाराद आंब्याचेर संशोधनाचे काम चालू आसा.

संशोधन/अभ्यासाचे काम पुर्ण करपा खातीर राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळान मानकुराद, मांगेलार आनी मुसाराद आंब्याचे उत्पादन घेवपी गोंय राज्यांतले शेतकांर आनी थळाव्यां विक्रेत्यांची संघटना स्थापन करपाचो निर्णय घेतला आनी त्या खातीर अशां शेतकारांची बसका घेवपाचे थारायला. सद्या कोवीड म्हामारीच्या एसओपी चो विचार करून ही बसका शेतकारांकडल्यान मेळपी प्रतिसादाप्रमाण ऑफलायन वा ऑनलायन घेवपाचे थारायतले. जीआय अर्ज भरपाची प्रक्रिया सुरू करपाखातीर बसकेत तात्पुरत्या समितीची निवड करपात येतली.

संघटना स्थापन करपाची प्रक्रिया पुर्ण करपा खातीर संबंदीत शेतकांर आनी थळाव्या विक्रेत्यांनी आपली नावनोंदणी करपाक 983453931 ह्या मो. नं. चेर एसएमएस /व्हॉटसअप करचो वा प्रकल्प अधिकारी श्री. दिपक परब हांचेकडेन संपर्क करचो.

संघटनेचे वांगडी नोंदणी जाल्या उपरांत वर्सुकीं बसका घेवन नियमीत समितीची निवड करपात येतली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/629

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji